# <u>शिरोडकर हांची स्नेह मंदिराक भेट</u>

ता. 25 ऑगस्ट
2022

प्रोव्हेदोरिया मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी काल फोंडेच्या स्नेह मंदिराक भेट दिली.

श्री. शिरोडकर हांणी ह्या वेळार स्नेह मंदिराक दिल्ल्या भेटीविशीं समाधान उक्तावन स्नेह मंदिराविशीं आपल्या काळजात खाशेले स्थान आशिल्ल्याचे सांगलें. स्नेह मंदिराच्या माध्यमातल्यान गोंय हिंदू असोसिएशनावतीन जाण्ट्या लोकांखातीर करपात येवपी सामाजिक आनी मानवतेच्या सेवेची तांणी तोखणाय केली.

ह्या वेळार तांचे हस्तुकीं विष्णू एम. कवळेकर होम नर्सिंग स्कुलाच्या पयल्या 10 विद्यार्थ्यांचो सत्कार केलो.

होम नर्सिंग स्कुलाचे प्राचार्य राजेंद्र तालक आनी हेर मानेस्त ह्या वेलार उपस्थित आशिल्ले.

श्रीधर कामत बांबोळकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/494

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji